०७.०८.२०२५ सकाळी ७.२५ वरां

आकाशवाणी पणजी केंद्र, प्रादेशिक खबरा विभाग

प्रादेशिक खबरो

- पाच P CR वाहनांचे उक्तावण केला. गुन्यावकारी घडणुकां वेळार लोकामेरेन कमीतकमी वेळात पावपा खातीर ही वाहना घेतल्यात अशे खबरा कारांकडे उलयताना मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत हाणी सांगले **byte**

- शीत- कडी जोवपी गोंयांत आता नुस्ते म्हारग जाला,नुस्त्याचे मोल मळबाक तेकिल्लयान ते गोंयकारांक आता परवडना,जेटीचेंर नुस्त थेट विकत घेवपी एजंन्ट तयार जाल्यात, कांय एजंन्ट नुस्ते थेट निर्यात करतात, हाका लागुन नुस्त्याचो ऊणाव जाला. अशा परीस्थितीत गोंयाकरांनी नुस्ते खांवचे तरी कशे असो प्रस्न आयज आमदार रुदाल्फ फर्नाडीस हांणी नुस्तेमार खात्याचे मंत्री निळकंठ ङळर्णकार हांका केल्लो. गोंयातले नुस्ते भायर गेल्यान शेजारच्या राज्यातले नुस्ते गोंयात येता . हे नुस्ते झेलाचे, तशेचं तातुंन फोर्मेलिन आसुयेता, फोर्मेलिन आसा काय ना ते पळोवपाक गोयंच्य फार्मासीनी लिटमस पेपर विकपाक दिवचे अशी मागणी फर्नाडीस हांणी केली. सरकारान भौशिक खाजगी भागिदारीतल्यान कोल्ड स्टोरेज सुविदा चालीक लावची, तशेचं quality control of india चे testing lab सुरु करचे अशी सुचोवणी तणी केली. ह्यावेळार मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी फुडल्या 6 म्हयन्याभितर कोल्ड स्टोरेजीचो प्रस्न सुटावो करता,तशेचं quality control of india चे testing lab चालीक लावपाच्या नदरेतल्यान काम सुरु करता अशे आस्वासन दिले. गोंयकारांक अनुदानीत मोलान नुस्ते मेळोवन दीवपाखातीर 6 म्हयन्याभितर धोरण चालीक लावपाचे आस्वासन ह्यावेळार मुखेलमंत्र्यान दीला.
- राज्यात १० वर्सा पुराय केल्या कंत्राटी शिक्षकाक सेवेत कायम करपा खातीर येवजण सुरू जातली. खयच्याच शिक्षकाक सरकारान नोकरेतल्या काडूक ना. कंत्राटी वा हेर सगळ्या शिक्षकांत म्हयन्याक २५ हजारावेर पगार मेळटा, अशें मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी सांगले. शिक्षण, खण, म्युझीयम ह्या खात्यांच्या मागण्याक बुदवारा राती जाप दितना तांणी ही म्हायती दिली. बालरथ चेबजणे खाला दिल्यो पोरण्यो बशी पावंड्या पावंड्यान बदलतले. ९० टक्के सरकारी विद्यालयांची दुरूस्ती पुराय जाल्या. उरिल्ल्या १० टक्के विद्यालयांची दुरूस्ती ६ म्हयन्यात जातली. गोंय विद्यापीठात १ लाख २० हजार चौमी जाग्याचेर फार्मसी म्हाविद्यालय, कला म्हाविद्यालयांचेर स्थलांतर जातले. पोरणे गोंय हांगा शेती खात्याच्या १० हजार चौमी जाग्यार म्युझीयम इमारत जातली. केंद्रा कडल्यान १० कोटींचे साहाय्य

मेळटले. खासगी एजन्सी मार्फत संजीवनी साकार कारखानो परत सुरू करपा खातीर परतून निविदा जारी जातली. ही निविदा ८ ते १० दिसांत जारी जातली. उत्तर गोंयात ६ आनी दक्षीण गोंयांत १ मेळोन ७खण ब्लॉकांच्या लीज कबलातीचेर बेगीनूच सह्यो जातल्यो. दक्षीण गोंयातल्या २० डम्पाची बेगीनूच पावणी जातली, अशें मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी सांगलें.

- भारत सरकाराच्या म्हायती आनी प्रसारण मंत्रालयाच्या खाला केंद्रीय संचारण ब्युरो (सीबीसी), गोंय हांणी भारतीय पोशण सोसायटी - गोवा विभाग आनी गोवा गृह विज्ञान महाविद्यालय हांच्या सहकार्यान संवसारीक स्तनपान सप्तक 2025 निमतान मिरामारांतल्या धेंपे कला आनी विज्ञान महाविद्यालयांत काल एक कार्यावळ घडोवन हाडली. धेंपे म्हाविद्यालयांतल्या भलायकी केंद्राच्या समन्वयान आयोजीत केल्ल्या ह्या कार्यावळीचो हेतू स्तनपानाचे म्हत्व आनी आवय आनी अर्भकां खातीर टिकावू आदार प्रणाली स्थापन करपाची गरज हांचे विशीं जागृताय निर्माण करपाचो आशिल्लो. पोशण सोसायटी ऑफ इंडिया - गोवा चॅप्टर हांची संयोजक आनी गोवा कॉलेज ऑफ होम सायन्साची सहाय्यक प्राध्यापिका वर्षा नायक हांणी ह्या वर्साच्या संवसारीक स्तनपान सप्तकाच्या “स्तनपानाक प्राधान्य दिवप: टिकावू आदार प्रणाली उबारप” ह्या विशयाचेर माहितीपूर्ण पॉवरपॉइंट सादरीकरण केले.
- पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत कमाल तापमान 31.4 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर किमान 25 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला. राज्यात फुडलया काय दिस काय वाठरांनी व्हडा प्रमाणात पावस पडू येता अशे वेधशाळेन कळीत केला